आकाशवाणी पणजीच्या

Date : 06/04/2026

राष्ट्रीय  खबरो 6.30 PM

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सेगीत तिसरे खेपे भाजपा आसामांत सरकार घडोवन हाडटलो असो विस्वास उक्तायला. आयज आसामाच्या बारपेटात वेंचणुकेच्या रॅलीक मार्गदर्शन करतना ताणी सांगलें

उपराष्ट्रपति आनी राज्यसभेचे सभापती सी.पी. राधाकृष्णन हाणी आयज वरिष्ठ सभाघरांतल्या नव्यान वेंचून आयिल्ल्या एकोणीस वांगड्यांक सोपूत दिलो.  केंद्रीय राज्यमंत्री रामदास आठवले आनी राष्ट्रवादी काँग्रेस पक्षाचे शरद पवार गटचे वडील फुडारी शरदचंद्र पवार हांणी राज्यसभेचे वांगडी म्हूण सोपूत घेतलो. हे दोगूय फुडारी महाराष्ट्रांतल्यान वेंचून आयल्यात.

अस्तंत आशियांतल्या संघर्श परिस्थितीत लेगीत देशांत अन्नधान्यांचो फावो तो सांठो आसा अशें सरकारान सांगले . नवी दिल्लींत आंतर मंत्रालयीन बसकेंत उलोवप करतना गिरायक वेव्हार खात्याचे अतिरिक्त सचीव अनुपम मिश्रा हांणी सांगलें कि  गरजेच्या वस्तूंचे मोल स्थिर आसा . देशांत दाळांचें उत्पादन फाटल्या वर्सा परस चड आसा तशेच वस्तूंचे दर आनी पुरवण हांचेर सरकार बारीकसाणेन नदर दवरता अशें ताणी सांगलें. मजगती केंद्र सरकारान अस्तंत आशियांतल्या संघर्शाक लागून संवसारीक कच्च्या तेलाच्या पुरवणत आडमेळी आयिल्ल्याच्या फातभूयेर 30 जून मेरेन गरजेच्या वट्ट चाळीस पेट्रोकेमिकल उत्पादनांचेर शीम शुल्क रद्द  केलां. हाका लागून संबंदीत क्षेत्रांचेर खर्चाचो दबाव उणो जातलो, पुरवण स्थीर जातली आनी गिरायकांक थाकाय मेळटली अशें वित्तमंत्रालयान सांगलां.

भारतीय जनता पक्ष आयज आपलो  47वो स्थापणूक दीस मनयता. हेनिमतन प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी, घरमंत्री अमित शाह भाजपाचे अध्यक्ष नितीन नवीन मूखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत आनी  हेर वरिश्ठ फुडाऱ्यांनी पक्षाच्या कार्यकर्त्यांक शुभेच्छा दिल्यात. राष्ट्र प्रथम ह्या तत्वांतल्यान प्रेरीत जावन समाजसेवेंखातीर हो पक्ष सदांच मुखार आसा अशे सोशल मिडिया पोस्टात प्रधानमंतत्रांनी म्हणला. bytes     २9 Sec आपले समर्पण आनी वचनबद्धतायेन पक्षाक घटमूट केल्ल्या सगळया कार्यकर्त्यांक हांव काळजा थावन परबीं दितां अशे मुखेल्मत्री डॉ प्रमोद सावंत हाणी सांगला. सेवा, सुशासन आनी गरीबांचें कल्याण ह्या आदर्शांनी मार्गदर्शन करून हो पक्ष घटमूट, आत्मनिर्भर आनी विकसीत भारताच्या सपनाचे दिकेन निश्ठन वावुरता अशे ताणी मुखार म्हणला.

देशांतल्या सैनिकांक बरी भलायकी सुविधा दिवप हें सरकाराचें मुखेल प्राधान्य आसा अशें संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी म्हळा. सैनिक प्रतिकूल हवामानां परिस्थितींत राष्ट्राची सेवा करतात अशें तांणी सांगलें. नवी दिल्लींत लश्करी वैजकी पथकाच्या स्थपणूक दिसा निमतान ते उलयतले

वैजकी दळाचो फाटीचो कणो आशिल्ल्या लश्करी नर्सिंग सेवेच्या नर्सींक निवृत्ती उपरांत माजी सैनिकांचो दर्जो दिवपाचो निर्णय सरकारान घेतला अशें तांणी सांगलें.

बायलांची सुरक्षीतताय आनी स्वाभिमान सुनिश्चीत करपा खातीर देशांत घटमूट कायदे आसात अशें राष्ट्रीय बायलां आयोगाची अध्यक्ष विजया राहाटकार हांणी स्पष्ट केले. दरेका बायलेक कायद्या प्रमाण आपले हक्क वापरपाचो सल्लो नवी दिल्लींत आकाशवाणीन आयोजीत केल्ल्या बायलां केंद्रीत प्रस्नांचेर आनी सशक्तीकरणाच्या उपक्रमांचेर मार्गदर्शन करतना ताणी दिलो.

फाटल्या धा वर्सांत देशांतलें नुस्तें उत्पादन दुपेटीन वाडलां,ताका लागून भारताक दर्यां उत्पादनां मळार संवसारांत दुसरी सुवात मेळ्ळा. सरकाराच्या म्हणण्या प्रमाण 2014-15 वर्सा सावन चालीक लायिल्ल्या नुस्तेमारी संबंदीत येवजण्यांनी 74 लाखां वयर प्रत्यक्ष आनी अप्रत्यक्ष रोजगार संदी निर्माण जाल्यात

हवामान

भारतिय हवामान खात्यान आयज अरुणाचल प्रदेश, दर्यादिगेवेलो आंध्र प्रदेश, केरळ, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकलकाय सुवातीनी चड पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.

खेळ

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत आयज सांजवेळा 7:30 वरांचेर कोलकाताच्या ईडन गार्डन्स मैदानार कोलकाता नाइट रायडर्स आनी पंजाब किंग्स पांगडा मदी खेळ जातलो .

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या.